# राज्यपालांची सत्तरी तालुक्यात भेट

ता. 23 फेब्रुवारी 2022

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज संपुर्ण गोंय दर्शन कार्यक्रमा खाला घरकान्न श्रीमती रिता श्रीधरन पिल्लई हांच्या वांगडा सत्तरी तालुक्यातल्यो पंचायती आनी देवस्थानांक भेट दिली.

राज्यपालान नगरगांव, माऊस आनी सावर्डे पंचायतीक भेट दिवन सरपंच आनी पंच वांगड्या बरोबर गांवच्या विकासाबाबतीत चर्चा केली. सरपंचानी आपल्या वांठारांतल्या विकासाची म्हायती राज्यपालाक करून दिली. राज्यपालान  सरपंच आनी पंच वांगड्यांक गांवांच्या विकासा खातीर सहकार्य करपाचे उतर दिले.

संपुर्ण गोंय दर्शन कार्यक्रमाचो उद्देश सांगतना राज्यपालान आपल्याक ग्रामीण लोकजीण जाणून घेवपाची आशिल्ल्याचे सांगून राज्याच्या विकासात ग्रामीण लोकवेवस्थेचे योगदान म्हत्वाचे आशिल्ल्याचे म्हणलें. गांवगिऱ्या वांठारांतल्या लोकांनी राज्याच्या सामाजिक-अर्थिक मळार योगदान दिवन गोंय हे भांगराळें राज्य करपाक हातभार लावपाचो उलो राज्यपालान ह्या वेळार मारलो.

प्रत्येकाची जीण समृध्द जावपा खातीर  मायभास म्हत्वाची आशिल्ल्याचे सांगून राज्यपालान आपूण थळाव्यों भाशां समजून घेवपाचो प्रयत्न करता, अशें सांगलें.

सुरवातीक राज्यपालान ब्रम्हकरमळी हांगाच्या ब्रम्हदेव देवस्थानाक भेट दिली.  पंच आनी देवस्थानचे अध्यक्ष श्री. पंकज खाडिलकर आनी देवस्थानचे आदले अध्यक्ष सखाराम देसाय हांणी राज्यपालाक येवकार दिलो. पर्यावरणमोगी श्री. राजेंद्र केरकर हांणी राज्यपालाक देवस्थानाच्या इतिहासाची म्हायती करून दिली. देवस्थानचे पुजारी श्री, संजय भाऊ केळकर हांणी राज्यपालाक यादस्तीक भेटोवन भोवमान केलो.

उपरांत राज्यपालान नगरगांव आंबेडे हांगाच्या सरकारी माध्यमिक शाळेक भेट दिवन शिक्षक आनी पालकांकडेन संवाद सादलो.

नगरगांवचे सरपंच प्रशांत मराठे, सावर्डेचे सरपंच अशोक च्यारी, माऊस पंचायतीच्यो सरपंच श्रीमती वंदना गांवस, पंच वागडी, राज्यपालांचे सचीव श्री. मिहीर वर्धन आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

निमाणे राज्यपालान वाळपयच्या पुलीस प्रशिक्षण केंद्राक भेट दिली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/131

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji